प्रादेशिक खबरो

05.06.2025 @ 7.25 am

रश्मि 135

19 december 2025 वन हक्क कायद्याप्रमाण जमनीच्यो सनदी दीवपाची प्रक्रीया पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.गोयात आता मेरेन सुमार 10500 अशे अर्ज प्रलंबीत आसात,हातुल्ले सुमार दोन हजार अर्ज निकालात किडल्यात ,जाल्यार उरील्ले सुमार 8 हजार अर्ज 19 डीसेंबर मेरेन निकालात काडटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.हे वीशी आयज मुखेलमंत्री सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात मुखेल सचीव ,महसुल खाते,रान खाते, तशेंच हेर संबंधीत खात्याकडे बसका घेतली.ते उपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दील्या.

रश्मि 100

गोंया सारख्या ा पर्यटन राज्यात app based taxi चालीक लावप ही काळाची गरज अशे सरकाराचे म्हणणे आसा,जाल्यार गोंयात taxi app सुरू जायत जाल्यार आमच्या वेवसायाचेर हावळ येतली अशे टॅक्सी वेवसायीकांचे म्हणणे. taxi aggrigator app चो  मसुदो सरकारान आमका विस्वासात घेनासतना केला अशे टॅक्सी वेवसाईक म्हणतात .हे  वीशी 20 जुना उपरांत फुडे किते कारवाय करप ते वीशी थारयतले अशी म्हायती All goa pvt. taxi operators association चे अध्यक्ष चेतन कामत हांणी आकाशवाणी पणजी केद्रांच्या खबराकाराकडे उलयतना म्हणला. जाल्यार सरकार टॅक्सी वेवसायीकांकडे उलोवन हो प्रस्न सुटावो करतले अशे सरकाराचे म्हणणे. इतलेमजगती गोंयात येवपी पर्यटकांनी गोया सारख्या पर्यटन राज्यात taxi app आसप गरजेचे अशी प्रतीक्रीया व्यक्त केल्या.

सुशांत 90

मडगांवच्या गोमंत विद्या निकेतन संस्थेन घडोवन हाडिल्लो तीन दिसांचो पंचमवेद नाट्य महोत्सव शुक्रार ६ जून ते ८ जून मेरेन जावपी ह्या महोत्सवात तीन मराठी नाटकां सादर करतले अशी म्हायती विद्या निकेतनचे अध्यक्ष सलील कारे हांणी दिली. ह्या महोत्सवात ६ जून रुद्रेश्वर पणजी ह्या संस्थेचे 'पालशेतची विहीर' हे नाटक ७ जून क राखाडी स्टुडिओ पुणे आणि कलासाद पुणे हांचे 'उच्छाद'हे नाटक जाल्यार ८ जून क राखाडी स्टुडिओ पुणे हांचे 'लव इज हार्मफुल' हे नाटक सादर करतले. हीं सगळीं नाटकां सांजवेळा 7 वरांचेर जातली आणि प्रवेश फुकट आसतलो अशी म्हायती आयज घेतिल्ले कारे हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

गणेश 70

उपचार, मुळाव्यो सुविधा उबारून टीबीमुक्त गोंय करपाक सरकार बंदिल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें टीबी मुक्त भारत अभियाना खाला पंचायत पावंड्यार दुयेंतींची तपासणी जातली. तपासणी खातीर एक्स रे मशीन खरेदी करपाक मुखेलमंत्र्यांनी बसकेत मान्यताय दिल्या. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांचे सयत हेर अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्ले. गोंय टीबीमुक्त करपा खातीर जागृताये सयत खासा कार्यावळी जातल्यो. टीबीच्या दुयेंतींक योग्य तो आहार दिवपा सयत तांचेर उपचार जातले, अशें मुखेलमंत्र्यांनी स्पश्ट केले.

महेश 130

सैमाचो आदर करपाचे परंपरेंत रुजील्लो भारत फाटल्या 11 वर्सांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला हवामान कृतींत संवसारीक फुडारी म्हूण उदेला. निष्क्रिय भुमिकेंतल्यान सक्रिय भुमिकेंत वचून भारतान हवामान न्यायाचो पुरस्कार करून, जिवा चळवळ (पर्यावरणा खातीर जिवीतशैली) सुरू करून आनी पंचामृत धोरणांतर्गत महत्वाकांक्षी ध्येया थारावन संवसारीक हवामान चर्चासत्राचे फुडारपण केलां. अक्षय ऊर्जा हो एक मध्यवर्ती आधारस्तंभ.

2014 वर्सा सावन सौर उर्जेची वाड 25 पटींनी जाल्या आनी पवनऊर्जा दुपेटीन वाडल्या. अणुशक्तींत चौरयाशी टक्के वाड जाल्या. आंतरराश्ट्रीय सौर युती, राष्ट्रीय हरित हायड्रोजन मिशन आनी प्रधानमंत्री सूर्य घर येवजण ह्या सारक्या उपक्रमांचो हेत जीवाश्म इंधनाचेर आदारून रावप उणें करप आनी गांवगिऱ्या समाजांक सशक्त करप हो आसा. नमामी गंगे. स्वच्छ भारत मिशन, गोबर्धन, उजो पालोवपी दळ सेवा आधुनिकीकरण, एनडीआरएफ बटालियन स्थापन, केदारनाथ आनी हेमकुंड साहिब रोपवे, एक पेड माँ के नाम मोहीम सारकिले प्रकल्प समाजाच्या सहभागाचें प्रतिबिंब आसात.

DIP 80

कामगार आनी रोजगार खात्याच्या कामगार कल्याण केंद्रां वरवीं राज्यांतल्या वेगवेगळ्या केंद्रांनी आयोजीत करपाच्या भरतकाम, सुईकाम, कटिंग आणि टेलरिंग ह्या धा म्हयन्यांच्या अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज मागयल्यात. हो अभ्यासक्रम 1 जुलय 2025 सावन सुरू जातलो. प्रशिक्षणाच्या फायद्याचो लाव घेवपाक सोदपी उद्देगीक कामगारांच्या भुरग्यांक आनी अवलंबितांनी लागींच्या कामगार कल्याण केंद्रांनी अर्ज करचे आनी चड म्हायती खातीर तांणी लागींच्या कामगार कल्याण केंद्रा कडेन संपर्क करचो. चड म्हायती खातीर आयुक्त, कामगार आनी रोजगार कार्यालय, कामत टॉवर, 7 वो माळो, पाटो प्लाझा, पणजी, हांगा संपर्क सादचो

हवामान 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण कमाल तापमान 32 डी. से. तर किमान 25.4 डी. से.आणि हवेतली आर्द्‌ता 98% नोंद जालया. गोयात चडशा सुवाटिनी पावस पडतलो आणि वारे वराक 45 ती 55 किमी वेगान व्हावतले तकहो वेग 65 किमी इटलो वंदू येता असो अदमास हवामान खात्यान दिला